# राष्ट्रीय खबरो 06.12.2025 @ 8.40 am

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू ह्या म्हयन्याच्या 9 तारखेक नवी दिल्लींत 2023 आनी 2024 वर्सांखातीरचे हस्तकला पुरस्कार भेटयतली
- भारत आनी रशियेन काल संरक्षण, वेपार, अर्थवेवस्था, भलायकी, शिक्षण, संस्कृताय आनी माध्यम ह्या मळार सोळा कबलातीचो आदान-प्रदान केला.
- भारत रत्न डॉ बी.आर. यांच्या ७० व्या महापरिनिर्वाण दिसा निमित्त आज राष्ट्र त्यांना आदरांजली ओपता
- एफआयएच हॉकी दादले कनिश्ट विश्वचषक 2025 वर्सा काल रातीं क्वार्टर फायनल मॅचींत बेल्जियमाक हारोवन भारतीय पंगडान उपांत्य फेरयेंत प्रवेश केलो.

राष्ट्रपती ५०

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू ह्या म्हयन्याच्या 9 तारखेक नवी दिल्लींत 2023 आनी 2024 वर्सांखातीरचे हस्तकला पुरस्कार भेटयतली हे पुरस्कार अतुलनीय कला उत्कृश्टतायेक मान्यताय दितात आनी देशांतलें गिरेस्त आनी विविधताय आशिल्लें हस्तकला दायज सांबाळपाच्या आनी वाडोवपाच्या सरकाराच्या वचनबद्धतायेची पुष्टी करतात अशें कापड मंत्रालयान सांगलें. राष्ट्रीय हस्तकला सप्तकाच्या उत्सवाचो हो एक भाग आसा.

उपराष्ट्रपती 30

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन पदभार स्वीकारल्या उपरांत पयलेच खेपे आयज गुजराताक भेट दितले. हे भेटी वेळार एकतानगरांतल्या स्टॅच्यू ऑफ युनिटी हांगा सरदार वल्लभभाई पटेलाच्या 150व्या जयंती समारोप समारंभात सुवाळ्यांत ते मुखेल सोयरे आसतले.

इंडिगो 60

इंडिगोच्या विमान येरादारींत आडमेळीं हाडपी परिस्थितीचो पुराय नियाळ घेवपा खातीर सरकारान चार वांगड्यांची समिती स्थापन केल्या. समिती कडेन 15 दिसां भितर अहवाल सादर करपाक सांगलां. ह्या व्यापक व्यत्यया फाटले मुळावे कारण समिती सोदून काडटली अशें डीजीसीएन निवेदनांत म्हणलां. इंडिगो विमानांच्या कामकाजात व्यत्यय आयिल्ल्यान डीजीसीएन भारतांतल्या सगळ्या पायलट संस्थां, संघटनां आनी पायलटां कडल्यान सहकार्य मागलां, जाका लागून हवाई येरादारी स्थीर आनी सुरळीत उरतली.

प्रधानमंत्री १७०

भारत आनी रशियेन काल संरक्षण, वेपार, अर्थवेवस्था, भलायकी, शिक्षण, संस्कृताय आनी माध्यम ह्या मळार सोळा कबलातीCH आदान-प्रदान केला. नवी दिल्लींत जाल्ल्या 23व्या भारत-रशिया वर्सुकी शिखर सभेंत रशियेचे राष्ट्रध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांचे वांगडा संयुक्त पत्रकार परिशदेंत उलोवप करतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारत-रशिया इश्टागतीन संवसारीक आव्हानांक तोंड दिवपाक बळगें मेळटलें आनी हो विस्वास दोनूय राश्ट्रांचो सामायिक केलो फुडार समृध्द करतलो असो विस्वास उक्तायलो. आतंकवादाच्या विरोधांत भारत आनी रशिया खांद्याक खांदो दिवन उबे रावतात अशें तांणी सांगलें. आतंकवाद हो मनीसपणाच्या मुल्यांचेर थेट हल्लो या भारताच्या अढळ विश्वासाचो त्यांनी पुनरुच्चार केलो आनी आतंकवादाच्या आड संवसारीक एकचार हो सगळ्यांत व्हडलो बळगें अशें सांगलें. Byte

23व्या भारत-रशिया वर्सुकी शिखर सभे उपरांत जारी केल्ल्या संयुक्त निवेदनांत दोनूय देशांनी आतंकवाद, अतिरेक, आंतरराष्ट्रीय संघटित गुन्यांवगिरी , मनी लॉंडरिंग, आतंकवाद्यांक अर्थीक आदार दिवप आनी बेकायदेशीर अंमली पदार्थांची तस्करी अशा आव्हानांक आनी धोक्यांक तोंड दिवपाच्या मळार द्विपक्षीय आनी बहुपक्षीय सहकार घटमूट करपाची त्यांच्या वचनबद्धतेची पुष्टी केली. सीमापार हालचाली आणि दहशतवादी वित्तपुरवठा नेटवर्क आणि सुरक्षित आश्रयस्थानां सयत सगळया प्रकारचे दहशतवाद रोखपाक आणि तान्चो प्रतिकार करपाक त्यांच्या दृढ वचनबद्धतेची दोनूय फुडाऱ्यांनी परतून पुष्टी केली.

रेल्वे 50

देशांत व्हड प्रमाणांत विमान उड्डाणा रद्द जाले उपरांत प्रवाशांची मागणी वाडत आशिल्ल्यान भारतीय रेल्वेन रेल्वे नेटवर्कांत सुरळीत प्रवास आनी फावो ती रावपाची सुवात मेळची हे खातीर व्यापक उपाययोजना केल्यात.

देशभरांतल्या 37 गाडयांनी वट्ट 116 अतिरिक्त डबे जोडल्यात. चड मागणी आशिल्ल्या मार्गांचेर अतिरिक्त चेअर कार आणि स्लीपर क्लास कोच सुरू केल्यात आनी ही वाड आयज सावन लागू जातली.

आंबेडकर 80

भारत रत्न डॉ बी.आर आबेडकरांच्या ७० व्या महापरिनिर्वाण दिसा निमित्त आज राष्ट्र त्यांना आदरांजली ओपता. राष्ट्र निर्मितींत डॉ. आबेडकरांच्या योगदानाच्या उगदासाक देश भरात वेगवेगळ्या कार्याव्लीचे आयोजन केला. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला यांच्या सयत हेर मानेस्त आयज सकाळीं नवी दिल्लीच्या संसद घर संकुलांतल्या प्रेरणा स्थळार पुष्पांजली अर्पण करतले. संसद भवनाच्या लॉनातल्या डॉ. आंबेडकरांच्या पूर्णाकृती पुतळ्याच्या चरनार आदरांजली ओपपाक

पुराय कार्यक्रम जनतेखातीर उक्तो आसतलो. भारत सरकारच्या सामाजिक न्याय आणि सक्षमीकरण मंत्रालयाच्या वतीन डॉ. आंबेडकर फाउंडेशन दरवरसा डॉ. आंबेडकरांचो महापरिनिर्वाण दिवस पाळता.

शिवराज सिंग २५

शेतकारांचें कल्याण हें आपलें मुखेल प्राधान्य आसा अशें केंद्र सरकारान म्हटलां. राज्यसभेंत पूरक प्रस्नांक जाप दितना कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी हे विशी सांगलें.

ईडी 90

ब्रिटनांतलो संरक्षण वेवसायीक संजय भंडारी हांचे कडेन संबंधित मनी लाँड्रिंग प्रकरणात एजन्सीन माजी काँग्रेस अध्यक्ष सोनिया गांधी यांचे जावय, उद्योगपती रॉबर्ट वड्रा हांका आरोपी म्हणून सांगल्या उपरांत आयज अंमलबजावणी संचालनालयाच्या सादरीकरणाचेर दिल्ली न्यायालयांत सुनावणी जावपाची शक्यताय आसा. फाटल्या म्हयन्यांत ईडीन दिल्लीच्या राऊस ॲव्हेन्यू न्यायालयांत मनी लांड्रिंग प्रतिबंधक कायद्या खाला केस दाखल केल्लो. अधिकाऱ्यांच्या म्हणण्या प्रमाण वड्राचे पीएमएलए खाला जबाब अंदूं जुलयांत नोंद जाल्लें. फेडरल मनी लांड्रिंग विरोधी एजन्सी रॉबर्ट वाड्राचेर परदेशातले अर्थीक वेव्हार आनी भंडारी कडेन संबंदीत मालमत्ते कडेन संबंद आशिल्ल्याचो आरोप केला. 2016 वर्सा भारत सोडून गेल्ल्या भंडारीक दिल्लीच्या एका न्यायालयान फरार आर्थिक गुन्हेगार घोषित केला

शाह 100

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज गुजरातांतल्या बनास डेरींत सहकार मंत्रालयाचे संसदीय सल्लागार समितीची तिसरे बसकेचे अध्यक्षपदार आसतले. तीन दिसांच्या गुजरात भेटीचेर आशिल्ले मंत्री सनादरांत बनास डेरीच्या बायो-सीएनजी आनी सारें प्रकल्पाचेंय उक्तावण करतले आनी सनादरांत 150 टीपीडी दुदाची पावडर आनी बेबी फूड प्रकल्पाचो भूमिपूजन सुवाळोय करतले. सनादरांत भौशीक बसकेंतूय मंत्री उलोवप करतले.
मज गती फुडल्या काय वर्सांनी देशात जीडीपींत सहकारी क्षेत्राचें योगदान तिप्पटीन वाडवपाचो सरकाराचो हेत आसा अशें शाहा हाणी म्हटला. गांवगिऱ्या अर्थवेवस्थेक घटमूट केल्या बगर विकसीत भारताचें सपन साकार जावंक शकना अशें ताणी गांधीनगरांत जाल्ल्या नाबार्ड-आयमाई अर्थवेवस्था शिखर सभेच्या उक्तावण वेळार सांगलें. नाबार्डाचो सहकार सारथी उपक्रम ग्रामीण सहकारी बँकांक फायदेशीर थारतलो.

SIR ९०

गोयात मुख्य वेचणूक अधिकारी (सीईओ) कार्यालयान जाहीर केले की, एकूण 11,80,421 गणना फॉर्म - जे राज्याच्या मतदार वळेरीच्या चालू आशिल्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (एसआयआर) चो भाग म्हणून सध्याच्या ११,८५,०३४ मतदारांपैकी 99.61% आसात - ते एकठाय केलात आणि त्यांचे डिजि टायझेशन केला. मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सगळ्या मतदारांक विनंती केल्या की ज्यांनी अजुन त्यांचे गणना फॉर्म सादर करूंक ना त्यांनी ते बेगीनात बेगीन करचे, गणना फॉर्म सादर करपाची निमणी तारीख ११दिसिम्बेर मेरेन वाड्यल्या अधिक सोयी खातीर, मतदार त्यांचे गणना फॉर्मvoters.eci.gov.in या संकेत थलावरवी ऑनलाइन सादर करू शकतात. हे विशी गोंय विद्यापीठातले राज्यशास्त्राचे सहाय्यक प्राध्यापक रावजी गांवकार हाणी मतदार वळेरीत खाशेल्या पडताळनीवीशी म्हायती दिली .

रिझर्व्ह

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन रेपो दर पाव टक्क्यांनी उणो केला हाका लागून घरां, गाड्यो आनी वेवसायीक रिणां सयत वेगवेगळीं रिणां सवाय जावपाची आस्त आसा. भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी चालू अर्थीक वर्साखातीरचे पांचवे चलन धोरण जाहीर केले.

स्पोर्ट्स 80

एफआयएच हॉकी दादले कनिश्ट विश्वचषक 2025 वर्सा काल रातीं चेन्नयच्या मेयर राधाकृष्णन हॉकी स्टेडियमांत जाल्ले क्वार्टर फायनल मॅचींत पारंपारिक प्रतिस्पर्धी बेल्जियमाक हारोवन भारतीय पंगडान उपांत्य फेरयेंत प्रवेश केलो

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी दक्षिण आफ्रिका हांचे मदीं तिसरी आनी निमाणी वन डे आयज विशाखापट्टणमांतल्या एसीए-व्हीडीसीए क्रिकेट स्टेडियमांत जातली. दनपारां 1:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

हवामान ४०

भारतिय हवामान खात्यान पंजाब, हरियाणा, उदेंत राजस्थान आनी झारखंडात शियांच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला.